२९-०५-२०२६

सकाळी: ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

बेकायदेशीर घुसखोरी आनी हेर अनैसर्गिक कारणांक लागून जावपी कृत्रिम लोकसंख्येतल्या बदलांची चौकशी करपाखातीर स्थापन केल्ली उचेल्या पावंड्यावेली समिती, कायद्याच्या गरजेचेर मूल्यांकन करतली अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांणी म्हळा.

राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवाल हांणी आतंकवादाआड निर्णायक कारवाय करपाच्या गरजेचेर दिलो भर.

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आयजसावन कर्नाटक, गोवा आनी केरळच्या तीन दिसांच्या दौऱ्यार वतले.

भाजपान पंजाब, हरियाणा, दिल्ली आनी त्रिपुरा ह्या राज्यांखातीर नव्या प्रदेशाध्यक्षांची नियुक्ती केल्या.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत दुसऱ्या क्वालिफायरच्या खेळात आयज गुजरात टायटन्स राजस्थान रॉयल्स पंगडा आड खेळतलो.

अमित शाह - १२०

बेकायदेशीर घुसखोरी आनी हेर अनैसर्गिक कारणांक लागून जावपी कृत्रिम लोकसंख्येतल्या बदलांची चौकशी करपाखातीर स्थापन केल्ली उचेल्या पावंड्यावेली समिती, हे समस्येचेर तोडगो काडपाखातीर कायद्याची गरज आसा कांय, हाचेय मूल्यांकन करतली अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांणी म्हळा. गांधीनगर हांगा एका कार्यावळीत ते उलयताले.  सर्वोच्च न्यायालयाचे निवृत्त न्यायाधीश न्यायमूर्ती प्रकाश प्रभाकर नावलेकर हांच्या अध्यक्षतायेखाला ही समिती एका वर्सा भीतर आपलो अहवाल सादर करतली.  केंद्र सरकार देशातल्या दरेका घुसखोराक वळखून ताका देशाभायर  काडपाक कटिबद्ध आसा अशेंय तांणी सांगले. घरमंत्री अमित शाह हांणी बांगलादेशी घुसखोरीवेल्या अस्तंत बंगालातल्या आदल्या तृणमूल काँग्रेस सरकाराचेर टीका केली आनी विधानसभा वेचणुके उपरांत  परिस्थिती बदल्ल्या अशें सांगले. सुरक्षीत शीम वण्टेखातीर सात दिसांत बीएसएफाक ६०० हेक्टर जमीन सुपूर्द केली अशें मुखेलमंत्री सुवेंदू अधिकारी हांची तोखणाय करताना घरमंत्र्यांनी सांगले.

अजित डोवाल - ११०

राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवाल हांणी आतंकवादाआड निर्णायक कारवाय करपाच्या गरजेचेर भर दिला. रशियातल्या आंतरराष्ट्रीय सुरक्षा मंचात ते उलयताले. आतंकवादाक ऊर्बा दितात, तांका तेंको दिवचो वा तांचेर खर कारवाय करची, हाचो निर्णय जापसालदार देशांनी घेवचो, अशें मॉस्कोतल्या बसकेत, अजित डोवाल हांणी सांगले. दुसऱ्या महाझूंजाउपरांत स्थापन जाल्ल्या जागतिक संस्थांमदी सुधारणा करपाचो मुद्दो लेगित उप्रासित केलो आनी 'जागतीक दक्षिणेतल्या' देशांक चड प्रतिनिधित्व दिवपाचे लेगित आवाहन तांणी हेवेळार केले. अस्तंत आशियातल्या परिस्थितीचो संदर्भ दिताना,  डोवाल हांणी होर्मुझची सामुद्रधुनी आनी लाल सागर हेसारख्या आंतरराष्ट्रीय दर्यादेग मार्गांवरवी सुरक्षित आनी बरतरेन वेपार सुनिश्चित करपाच्या गरजेचेर लेगित भर दिलो. हे बसकेवेळार तांणी रशियाच्या सुरक्षा परिषदेचे

सचिव सर्गेई शोइगु हांचीय भेट घेतली. दोनूंय फुडा-यांनी संरक्षण, सुरक्षा, ऊर्जा आनी वेपार हेसयत वेगवेगळ्या मळावेल्या सहकार्याचो नियाळ घेतलो.

उपराष्ट्रपती - ९०

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आयजसावन कर्नाटक, गोवा आनी केरळच्या तीन दिसांच्या दौऱ्यार वतले. आयज ते बंगळूरुत 'आर्ट ऑफ लिव्हिंग फाउंडेशन'च्या ४५ व्या वर्धापन दिसाच्या जागतिक सुवाळ्यात वाटेकार जातले. त्याउपरांत ते दावणगेरे येथील 'युनिव्हर्सिटी बीडीटी कॉलेज ऑफ इंजिनिअरिंग'च्या प्लॅटिनम ज्युबली सुवाळ्यात वाटेकार जातले.फाल्या उपराश्ट्रपती राधाकृष्णन पणजेत गोंय राज्य स्थापणूक दिसाच्या सुवाळ्यात वाटेकार जातले आनी 'सीएसआयआर-नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओशनोग्राफी'ला भेट दितले. आयतारा, ते कर्नाटकातल्या बेल्थंगडीत 'सीआरआय इंडस्ट्रियल पार्क'चे उक्तावण करतले आनी श्री क्षेत्र धर्मस्थळ मंजुनाथ स्वामी मंदिराक भेट दितले. त्याउपरांत, ते केरळातल्या कोट्टायम हांगा 'दीपिका' ह्या मल्याळम दिसाळ्याच्या १४० व्या स्थापणूक दिसाच्या सुवाळ्याचे उक्तावण करतले.

नवे प्रदेशाध्यक्ष - ८०

भाजपान पंजाब, हरियाणा, दिल्ली आनी त्रिपुरा ह्या राज्यांखातीर नव्या प्रदेशाध्यक्षांची नियुक्ती केल्या. भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी उदेंत दिल्लीचे खासदार आनी केंद्रीय मंत्री हर्ष मल्होत्रा हांची पक्षाच्या दिल्ली प्रदेशाध्यक्षपदाचेर नियुक्ती केल्या. डॉ. अर्चना गुप्ता हांची हरियाणा भाजपाच्यो मुखेली म्हूण, तर केवल सिंग ढिल्लन हांची पंजाब भाजपाचे नवे प्रदेशाध्यक्ष म्हूण नियुक्ती केल्या. अभिषेक देबरॉय हांची त्रिपुरा भाजपच्या प्रदेशाध्यक्षपदाचेर नियुक्ती केल्या. हे नियुक्त्यांच्या माध्यमातल्यान, नितीन नबीन हांणी राज्यांच्या तशेच राष्ट्रीय पावंड्यावेल्या पदाधिकाऱ्यांचो नवो पंगड वेचून काडपाची प्रक्रिया सुरू केल्या.

जनजाती सुरक्षा मंच - ४०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लीत जनजाती सुरक्षा मंचच्या प्रतिनिधींची भेट घेतली. आदिवासी समाजाविशी मंचचे समर्पण

ख-यानीच तोखणाय करपासारखेच आसा अशें सोशल मीडियावेल्या एका पोस्टात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. हे बसकेवेळार आदिवासी समाजाच्या विकास आनी सक्षमीकरणाकडेन संबंधित वेगवेगळ्या मुद्द्यांचेर अर्थपूर्ण चर्चा जाली.

जयशंकर - ८०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल सायप्रसचे राष्ट्राध्यक्ष निकोस ख्रिस्टोडौलायड्स हांची भेट घेतली. हे भेटीवेळार दोनूंय वटेन अस्तंत आशियातील बदलत्या परिस्थितीचेर आनी भूंयमध्य दर्यादेग प्रदेशातल्या भारताच्या हितसंबंधांवर चर्चा केली, अशें एका सोशल मिडिया पोस्टात डॉ. जयशंकर हांणी सांगले. सायप्रसच्या राष्ट्राध्यक्षांनी हालीच केल्ल्या भारत भेटीक लागून दोनूंय देशांमदली भागीदारी एका नव्या पावंड्यार पावल्या अशेंय ते उलयले. जयशंकर हांणी सायप्रसातल्या जिम्निच हांगा युरोपियन युनियनच्या विदेश मंत्र्यांच्या अनौपचारिक बसकेत लेगित बरी चर्चा जाल्ल्याचे सांगले. तांणी युरोपियन युनियन आणी भूंयमध्य दर्यादेगेवेल्या देशांवांगडा आशिल्ले भारताच्या संबंधांविशी परतून एक फावट पूश्टी दिली.

आरोग्य मंदिर - ५०

२०२५-२६ ह्या वर्सात दिल्लीत ३७० आयुष्मान आरोग्य मंदिर सुरू केल्यात. ही केंद्रां केंद्र सरकारच्या मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण आनी निर्धारित आर्थिक मानकांप्रमाण विकसित आनी संचालित केल्यात अशें दिल्ली सरकारन म्हळां.

खर्च निर्धारित मर्यादेपरस चड जाल्ल्याच्या माध्यमांमदल्या खबरांचे सरकारन खंडन केला. राजधानीतल्या भलायकी सेवांचा विस्तार पूरायपणान पारदर्शकतेन करतात अशें दिल्लीचे भलायकी मंत्री डॉ. पंकज कुमार सिंह हांणी सांगले.

हवामान - १००

हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढच्या कांय वाठारांनी गडगड आनी पावसाखातीरचो रेड अलर्ट जारी केला. काल रातीं राष्ट्रीय राजधानी दिल्लीत वेगवेगळ्या वाठारांनी पावस पडिल्ल्यान  खर उश्णतायेंतल्यान सुटका मेळ्ळी. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण आयज बिहार, दिल्ली, पंजाब, राजस्थान, आनी उत्तर प्रदेशांत खर वारें  मारपाची शक्यताय उक्तायल्या. छत्तीसगढ, अस्तंत बंगाल, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, कर्नाटकांत अशीच परीस्थिती आसतली. अंदमान आनी निकोबार  जुंवे, केरळ, माहे, बिहार, ओडिशा, पंजाब, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, उत्तराखंड, आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

आयपीएल -

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत दुसऱ्या क्वालिफायरच्या खेळात आयज गुजरात टायटन्स राजस्थान रॉयल्स पंगडा आड खेळतलो.

हो खेळ न्यू चंदीगडातल्या महाराजा यादवेंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमात सांजे ७:३०क. आयच्या खेळातलो जैतीवंत पंगड आयतारा अहमदाबादात जावपी निमण्या खेळात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूरु पंगडा आड खेळतलो.

ही आसा एक कळोवणी ....

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर, कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीर योग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा.

अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.